# <u>एड्स निर्मूलना खातीर जागृताय म्हत्वाची- राज्यपाल</u>

ता. 1 डिसेंबर 2021

एड्स दुयेंसाच्या निर्मूलना खातीर लोकांमदी आनी खास करून युवकांमदी जागृताय करपाची गरज आसा. राज्यांत एड्स जागृताय कार्यक्रमांचे आयोजन करून तळागाळातल्या लोकांक ह्या दुयेंसा विशीं म्हायती करून दिवपाक जाय अशें गोंयचे राज्यपाल श्री. पी. एस. श्रीधरन पिल्लई हांणी आयज राजभवनार संवसारीक एड्स दिसानिमतान गोंय राज्य एड्स नियंत्रण संस्था आनी विद्या प्रबोधिनी महाविद्यालयाच्या रेड रिबन क्लबाच्या सहकार्यान आयोजीत कार्यक्रमात गोंय विद्यापिठाकडेन जोडिल्ल्या म्हाविद्यालयांतल्या विद्यार्थ्यांक एड्स जागृतायेविशीं ऑनलायन सोपूत दिवपाच्या कार्यक्रमात उलयताना सांगलें.

लोकांमदी एड्स जागृतायेखातीर फुडाकार घेतिल्ले खातीर राज्यपालान विद्या प्रबोधिनी महाविद्यालयाची तोखणाय केली. गोंयच्या तरणाच्यांनी एचआयव्ही/एड्स दुयेंसाविशीं जागृताय करपा खातीर आपखोशेन फुडें येवपाची विनंती राज्यपालान केली.

एड्स सारख्या दुयेंसाचेर आयज मेरेन पुर्ण उपचार ना आनी त्या खातीर ह्या दुयेंसापासून पयस रावप हेच योग्य आसा. लैंगिक संबंध हेच एकमेव एड्साचे कारण ना जाल्यार ड्रग्सांसारखीय कारणां आसात आनी हे आपल्या नदरेक मिझोरमाचे राज्यपाल आसतना आयला, अशेंय तांणी सांगलें.

ह्या वेळार गोंय विद्यापिठाचे कुलगुरू हरिलाल बी. मेनन, गोंय विद्यापिठाचे रजिस्ट्रार प्रो. व्ही. एस, नाडकर्णी, राज्यपालांचे सचीव आर. मिहीर वर्धन, राज्यपालांचे जोड सचीव श्री. गौरिष शंखवाळकर, राज्यपालांचे एडीसी विश्राम बोरकर, लेफ्ट. दर्शन एन. संकरादी, उच्च शिक्षण संचालक श्री. प्रसाद लोलयेकर, गोंय राज्य एड्स नियंत्रण संस्थेच्यो प्रकल्प संचालक डॉ. गीता काकोडकर, विद्या प्रबोधिनी महाविद्यालयाचे प्राचार्य डॉ. भुषण भावे आनी हेर मानेस्त उपस्थित आशिल्लें.

विद्या प्रबोधिनी महाविद्यालयाचे विद्यार्थी आनी गोंय विद्यापिठाकडेन जोडिल्ल्या म्हाविद्यालयांतल्या विद्यार्थ्यांनी एड्स जागृतायेविशीं ऑनलायन सोपूत घेतलो.

तशेंच ह्युमन टच फाऊंडेशनाच्या समन्वयान 40 एचआयव्ही भुरग्यांनी राजभवनार भेट दिली. राज्यपालान ह्या भुरग्यांकडेन संवाद सादलो आनी दनपरांचे जेवण केले. ह्या भुरग्यांनी राजभवन वांठाराचेय दर्शन घेतले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/1009

--

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji